**15.04.2025** **7.20 pm**

- गोंय भाजपा वतीन राज्यात वक्फ सुधार  जन जाग्रण अभियान राबयतले अशी म्हायती भारतीय जनता पार्टीचे सरचितनीस राधा मोहन दास अगरवाल हांणी दिली
- गोंय पुलिशेच्या गुन्यांव फांट्यान चिखले  मुरगांव  धाड घालुन 43.20 कोटी रुपयाची  घुवळी वखदा आयज जप्त केल्यात.
- गोंय पुलिशेच्या गुन्यांव फांट्यान चिखले  मुरगांव  धाड घालुन 43.20 कोटी रुपयाची  घुवळी वखदा आयज जप्त केल्यात.
- नामनेचे तियात्रिस्त आनी दिग्दर्शक लिगोरीओ फर्नांडीस हांकां काल जाण्टेपणाक लागून मरण आयले.

रश्मि /गणेश 170

गोंय भाजपा वतीन राज्यात वक्फ सुधार जन जाग्रण अभियान राबयतले अशी म्हायती भारतीय जनता पार्टीचे सरचितनीस राधा मोहन दास अगरवाल हांणी पणजे भाजप मुख्यालयात घेतिल्या पत्रकार परीशदे वेळार दिली .मुस्लिम समाजाच्या जागृताये खातीर तशेंच वक्फ मंडळाची म्हायती ,ताचे कार्य, वक्फ मंडळाकडे आशिल्या जागेचो उपेग मुस्लिम समाजाखातीर शिक्षण तशेंच हॉस्पिटला बांधपाखातीर करतले अशी म्हायती तांणी दिल्या. Byte= राधा

वक्फ कायदो दुरूस्ती मुसलमानां सयत सगल्या धर्माच्या लोकां खातीर कशे तरेन फायद्याचो आसा, हे विशीं गोंयांत जनजागृताय अभियान जातलें. ह्या अभियानांत मगो सयत अपक्ष आमदारूय वांटेकार जातलो. हे दुरुस्तीचो फायदो धा वर्सां उपरांत दिसतलो, अशें वीजमंत्री आनी मगोचे आमदार सुदिन ढवळीकर हांणी बसके उपरांत सांगलें.

वक्फाकडे  ज्यो मालमत्ता आसात त्यो ताब्यांत घेवन तांचो योग्य तरेन विनीयोग करतले. दुरूस्ती विधेयक, तांतल्यो तरतुदी आनी लावा विशीं जागृताय

करतले. वक्फान ताब्यात घेतिल्ल्या मालमत्तांचो मुस्लिम समाजाकूच फटको बसला, अशें पंचायत मंत्री मॉविन गुदिन्हो हांणी म्हणलें. ह्या पत्रकार परीशदेक मुखेल मंत्री प्रमोद सावंत, सभापती रमेश तवडकर जीत आरोलकर आमदार डॉ. चंद्रकांत शेट्ये आनी अलेक्स रजिनाल्ड तशेच भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक, राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे तशेचं म्हापसाचे आमदार जोशुवा डिसूझा हाजीर आशिल्ले.

रश्मि 140

म्हापसा यार्डातले तशेंच शिवोले विकपाक दवरील्ले कांय आंबे आनी केळी गोंय अन्न आनी वखदा प्रशसनाच्या अधिकाऱ्यांनी आयज जप्त केल्यात. तशेंच आंब्याचे नमुने चांचणी खातीर प्रशासनाच्या लॅबात धाडल्या. आंब्याक रसायनाचो उपेग करुन पिकयतात , हे आंबे खाल्या उपरांत लोकांची भलायकी इबाडु येता ताका लागुन ही धाड सुरु केला अशी म्हायती प्रशासनाच्या अधिकाऱ्यां कडल्यान मेळया. ह्या धाडयेत 180 आंब्याच्यो पेटयो, जाल्यार 450 कीलो केळी जप्त केल्यात.

उत्तर गोंया सयत दक्षीण गोंयांत लेगीत अशा प्रकारची तपासणी अन्न वखदा प्रशासनात केल्या. तशेचं शिवोले, मडकय, कुंडय, कर्नाटका सांवन मडगांवा गांधी मार्केटात विकपाक आयिल्ले आंबे अन्न आनी वखदा प्रशासनान चाचंणे खातीर धाडल्यात. सध्या गोंयांत आंब्याचो हंगाम सुरु आसा, मानकुराद, हापुसा सयत आंब्याचे हेर जाती विकपाक बाजारात आयल्यात. हळदुळे आंबे पळयतकच लोक ते घेवपाक वताता, मात ते आंबे सैमीक तरेन पिकल्यात कांय रसायनिक पध्तीन ताची खात्री गिऱ्हायकांनी ते विकत घेवच्या पयली करची अशे आवाहन गोंय अन्न आनी वखदा प्रशासनान केल्या.

रश्मि 120

गोंय पुलिशेच्या गुन्यांव फांट्यान चिखले मुरगांव धाड घालुन 43.20 कोटी

रुपयाची घुवळी वखदा आयज जप्त केल्यात. ह्या वर्सातली गोंय पुलिशची ही सगळ्यात व्हडली घुवळी वखदांची धाड आसा अशी म्हायती गुन्हयाव फाट्याचे पुलिस अधिक्षक राहुल गुप्ता हांणी दिल्या. पुलिशेन दिल्या म्हायती प्रमाण चोकलॅट आनी कॉफीच्या पिशव्यांनी घुवळी वखदा पॅक करुन घुवळी वखदांचो हो वेव्हार सुरु आशिल्लो असे कळ्ळा.. जाल्यार वास्को- -बायणा रावपी निबू व्हिसेंट तशेंच वास्को - सडा रावपी मंगेश वाडेकार आनी रेशमा वाडेकर ह्या घोव-बायलेक ह्या कारवाये अंतर्गत पुलिशेन अटक केली Byte- Rahul Gupta- SP- CRIME BRANCH

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी पुलिशे च्या ह्या कारावाये खातीर गोंय पुलिशेच्या गुन्हयाव फाट्याची तुस्त केल्या. गोंयांत घुवळी वखदा आड ह्या फुडे लेगीत खर कारवाय सुरुच उरतली अशे तांणी म्हळा.

रश्मि 90

गोंयात आशील्ल्या housie माफीयाचेर सरकारान कडक कायदेशीर कारवाय करची अशी मागणी गोवा फुटबाल संघटनेचे अध्यक्ष कायतानो फर्नाडीस हांणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांची भेट घेवन तांका निवेदन दीवन केल्या. हावसी ह्या जुगाराच्या प्रकाराचेर सरकारान बंदी घाल्या .मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी हे वीशी दोन दीसा पयली घोशणाय केल्ली.पयली ल्हान प्रमाणात हावसी चलताली ,मात आता ताचे स्वरूप मोटे जाला.ताका लागुनुच ह्या जुगाराक पुर्णविराम लावपाक सरकारान हावसीचेर गोंयात पुरायपणान बंदी घाल्या. हावसी सारख्या बेकायदेशीर प्रकरांक लागुन खेळा मळ तशेंच समाजाचेर वायट परीणाम जाता.ताका लागुन हावसीआड कारवाय जावप गरजेची अशे फर्नाडीस हांणी म्हळा

सुशांत 160

जुदास', 'फोटकीरी आशा', 'किर्मिदोर' अशे एकापरस एक फामाद तियात्र बरोवन माचयेर हाडपी नामनेचे तियात्रिस्त आनी दिग्दर्शक लिगोरीओ फर्नांडीस हांकां काल

जाण्टेपणाक लागून मरण आयले. तांची पिराय ८६ वर्सांची आशिल्ली. १६ एप्रीलाक दनपारां बाणावलेंत सेंट जॉन द बॉप्तिस्त इगर्जेंततांचे कुडीचेर निमणे संस्कार करतले. लिगोरियो फर्नांडिस हांच्या मरणाचेर गोवा तियात्र अकादेमीन दुख्ख उक्तायत तांकां आर्गां ओंपली.

1939 वर्सा बाणावलीं हांगा जल्मल्ले लिगोरीओ फर्नांडीस हांका ल्हान पिराये सावन तियात्राचो  मोग आशीलो . आपले एसएससीचें शिक्षण पुराय जातकच तांणी तियात्र मळार पावल घाल्ले. तियात्र माचयेर विंगड विंगड समाजीक विशयांचेर ३० वयर तियात्र माचयेर हाडपा वांगडाच धर्मीक स्वरूपाचे तियात्रय माचयेर हाडलें. तांच्या जायत्या गितांच्यो सीडी आनी कॅसेट प्रदर्शित जाल्ल्यो. तांची सगळ्यांत लोकप्रिय कॅसेट म्हळ्यार 'मुज्या पातकाक सोजा'

लिगोरिओ फर्नांडीस हांणी तियात्र मळार खूब योगदान दिलां. नव्या तियात्र कलाकारांक मार्गदर्शन करून ताणें तियात्र मळार कलाकारांची नवी पिळगी निर्माण केली अशें फर्नांडीस हांकां आर्गां ओंपतना गोवा तियात्र अकादेमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझ हांणी सांगलें. तांच्या फाटल्यान तांची घरकान्न रोसालीना, पूत साविओ जे जे सून आनी नातरां असो परिवार आसा

सुभाष 120

राज्यातल्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांतल्या विद्यार्थ्यांनी आनी शिक्षकांनी आंतरराष्ट्रीय हिंदी ऑलिंपियाड २०२५ सर्तीत व्हडा संख्येन वांटेकार जांवचे अशे आवाहन राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेची संचालक मेघना शेटगावकर हांणी केला. हिंदी ऑलिंपियाड २०२५ आनी अमृत कुंभ सम्मान २०२५ ही मानाची सर्त वेगवेगळ्या देशांतल्या विद्यार्थ्यांक आनी शिक्षकांक हिंदी भाशेंत आपली कुशळटाय दाखोवपाची संद दिता. संवसारभर हिंदी भास उलोवपी मनशा मदलें नातें घटमूट करपाचो ह्या सर्तीचो हेत आसा. ह्या सर्तीत वांटो घेवन विद्यार्थी आनी शिक्षक आपली भास कुशळटाय, सांस्कृतीक समजिकाय वाडयतात. हिंदी ऑलिंपियाड फावंडेशन, नवी दिल्ली ह्या संस्थेन विद्यार्थ्यां खातीर

'आंतरराष्ट्रीय हिंदी ऑलिंपियाड २०२५' आनी शिक्षकां खातीर 'अमृत कुंभ सम्मान-२०२५ आयोजित केल्या.

डेस्क 30

गिमाळी मोसमात चलपी अतिरिक्त रेलवेत मडगाव सावन  कणकवली वचपि रेलवे नंबर 11100 लोकमान्य तिलक एक्स्प्रेसचे  वेळापत्रक 18 एप्रिल सावन बदलला . रेल्वेचे थांबे आनी वेळे खातीर www. enquiry.indianrail. gov. in ह्या संकेत थळाक  भेट दिवची

DIP 130

मनोहर पर्रीकार स्कूल ऑफ लॉ, गव्हर्नन्स अँड पब्लिक पॉलिसी, गोवा विद्यापीठ, पणजेच्या कॅमॉएस - सेंट्रो द लिंगुआ पोर्तुगेसा (सीएलपी) हांच्या सहकार्यान "हवामान बदलाक दर्यादेगेवेल्या नेमांक अनुकूल करप: गोयातलो कायदेशीर तुलनात्मक अभ्यास, 256 एप्रिल" ह्या विशयाचेर खाशेली शिक्षणीक चर्चा आनी प्रकल्प पणजीत  सुरू करतले. गोंय विद्यापिठाच्या कायदो विभाग आनी लिस्बन विद्यापीठ हांचे मदल्या समजीकायेच्या कबलातीच्या चौकटींत ही कार्यावळ घडोवन हाडल्या गोवा स्टेट रिसर्च फाउंडेशन (GSRF) कडलयान  लघु संशोधन अनुदान प्राप्त प्रा. वैभवी राणे, किनारी नियमनात हवामान बदल अनुकूलन या विषयावेल्या अभ्यासाचे फुडारपण करतली .

DIP 120

गोंय राज्य शिक्षण संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळान 20 एप्रिल क राज्यांतल्या तालुका केंद्रांचेर सकाळी 10.00 ते 12.00 वरा मजगती चौथी इयत्तेच्या विद्यार्थ्यां खातीर उत्तेजन शिश्यवृत्ती परिक्षा (प्रज्ञासोद परिक्षा) आयोजीत केल्या.दिवचले बार्देस म्हापशे- पेडणे- सत्त तिसवाडी -साश्ट तालुका- सांगे- काणकोण- धारबांदोड- VVS लाड  मुरगांव- वास्को-.  हांगा जातलयो प्रज्ञासोद परिक्षेक बसपी

विद्यार्थ्यां 9.30 वराचेर परिक्षा केंद्राचेर हजर रावपाक जाय. विद्यार्थ्यांनी बॉल पेन आनी हॉल तिकेटी वांगडा हाडची.

तापमान **50**

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान **34.4** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **25** डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता **68 %** नोंद जाला**.** राज्यात फुडले चार दिस **35-26** डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि फुडले चार दिस हवामान वताळ आसतले आनी नुसते माराक वेधशाळेन खास शिटकवनी दिवूक ना

**DIP** 75

खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयान गोंयच्या तरणाट्या पात्र खेळगड्यांक खेळां शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज मागयल्यात. **2025-26** वित्तीय वर्सा खातीर वट्ट **25** शिश्यवृत्ती दितले. **6** व्या ते **12** वी वर्गांत शिकपी पात्र उमेदवार**,** जांणी **2024-25** वर्सा राज्य**,** राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यावेल्या सर्तींनी प्रतिनिधित्व केलां**,** तांणी शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज करु येता.

आनी इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो**.** यांचे मुखवेल्यो प्रादेशिक खबरो तुमका एकूनक मेळतल्यो फाल्या सकाळी सात वरा **25** मिनिटांचेर नमस्कार